
# गांधी



लेखक : डॅमी

कोंकणी अणकार : नमन सावंत धावस्कार

मोहनदास करमचंद गांधी – हांकां तांचे अनुयायी महात्मा (महान-आत्मा) ह्या नांवान संबोधीत करताले. तांचो जल्म भारतांत, 1869 वर्सा जालो. उपरांत ते संवसारांतले सगल्यांत प्रभावशाली आनी आदरणीय राजनितीक आनी समाजीक फुडारी जाले.

गांधी एक निश्चयी आदर्शवादी आनी धीट बुद्धीवादी आसले. तांणी स्वताक सामान्य लोकांच्या संघर्शां कडेन जोडून घेतलें. निमाणें ते सगल्यां दुर्बळ आनी शोशितांचो एकमेव आवाज जाले. तिरस्काराक आनी दुस्वासाक फकत मोगान जिकूं येता ह्या मतार तांचो ठाम विश्वास आसलो. समाजीक आनी राजनितीक बदल अहिंसक तरेन हाडपा खातीर ते आग्रही आसले. भारतांतले जाती वेवस्थेंत कांय बदल हाडपाक आनी ब्रिटिशा कडल्यान भारताक स्वातंत्र्य दिवपाक ते येशस्वी जाले.

गांधींचे जिणेन जगांतल्या कितल्याशाच प्रगतीशील फुडाऱ्यांक प्रेरणा दिल्या. अमरिकेंत नागरी हक्कां खातीर अहिंसक लढाय लडपी मार्टिन लूथर किंग, दक्षीण अफ्रिकेंत अश्वेतांच्या आंदोलनाचे फुडारी नेल्सन मंडेला हांचो लेगीत तातूंत आसपाव आसा. पुराय संवसारांत जंय जंय अहिंसक आंदोलनां जाल्यांत थंय थंय लोक गांधी विचारांनी प्रेरीत आनी प्रभावीत जाल्यात.

सोबीत उतरांनी आनी चित्रांनी हांगा डॅमी हांणी गांधींच्या विचारांक सहजतायेन आनी निर्मळतायेन पितारल्यात. डॅमी हांचे खातीर अहिंसेच्या म्हान दुताक दिल्लीं हीं आर्गां.




गांधीचो काळ
(1869-1948)
ग्रेट ब्रिटन
GREAT BRITAIN
London
लंडन
पाकिस्तान
PAKISTAN
Allahabad
New Delhi
Amritsar
Porbandar
भारत
Dandi
INDIA
PAKISTAN
Gandhi's World
1869-1948
दक्षीण अफ्रिका
SOUTH AFRICA
केप टावन
Cape Town
Durban
डर्बन

"जो दुसऱ्यां भितर स्वताक पळयता आनी स्वता भितर


सगल्यांक पळयता तोच विवेकशील आसता.

आत्माक सतावपी ताच्या सगल्या सुवार्थी इत्सांक आनी

वासनांक ईश्वराच्या मोगा पासत गिळून उडयल्यात."


– भगवद् गीता, अध्याय 2, श्लोक 55


# गांधी



लेखक : डॅमी
कोंकणी अणकार : नमन सावंत धावस्कार








मोहनदास करमचंद गांधी हांचो जल्म पोरबंदर, भारतांत 2 ऑक्टोबर 1869 दिसा जालो. तांचो बापूय राजाच्या दरबारांतलो एक प्रधान आसलो. तांची आवय खूब धर्मीक आसली. आवयन आपल्या भुरग्यांक जैन धर्माची दिक्षा दिल्ली. ल्हानपणा सावन कर्म ह्या सिद्धांताचेर विश्वास दवरीत गांधी वाडले - आत्माचे शुद्धी खातीर प्रार्थना करप, शिस्त पाळप, प्रामाणीक रावप, उण्यांत उणे वस्तूंतल्यान गरजो भागोवप आनी केन्नाच कोणाक दुखोवप ना.


जैन धर्माचे परंपरे प्रमाण, गांधींचें 13 वर्सांचे पिरायेर लग्न जालें. तांची सोबीत बायल कस्तुरबा मकानजी लेगीत 13 वर्सांचीच आसली. सोंशीकताय, घटमूटसाण आनी धिटाय ह्या गुणांनी ती भरिल्ली.






ल्हानपणांत गांधी सामके लजकुरे आनी भिवकुरे आशिल्ले. तांकां भूत, सोरोप आनी काळखाची भिरांत दिसताली. न्हिदतना लेगीत ते दिवो पेटोवनूच न्हिदताले. तांची ही आवतिकाय पळोवन कस्तुरबाक हांसपाक येताले.

गांधीक आपूण हेरां परस वेगळोशें दिसतालें. शिकपाक ते सादारण आशिल्ले. कशेय करून एकदाचे ते हायस्कूलांत पास जालें. पूण कॉलेजींत कांय विशयांनी ते नापास जाले. आपल्या चुलत्याचे सांगणेन 1888 सालांत आपले घरकान्नेक सोडून गांधी, कायदो शिकपाक लंडनाक गेले. लंडनाक जायतो तेंप तांकां एकटेपण खावंक येतालें. परकी देशांत एक परदेसी आशिल्ल्याचे तांकां जाणवताले. आपूण तांच्या मदलोच एक जावपा खातीर गांधीन स्वता भितर बदल घडयलो आनी ते एक इंग्लीश जॅण्टलमॅन जावपाचो यत्न करूंक लागले. ते म्हारग कपडे घालपाक लागले आनी व्हडल्या घरांत रावपाक लागले. गांधी अचूक इंग्लीश उलोवपाक शिकले. वायलीन शिकपाच्या वर्गाक ते गेले तशेंच इंग्लीश नाच फॉक्स-ट्राट लेगीत ते शिकले.







पूण इतलो बदल घडूनय गांधी खूश नासले. जैन संस्कारांक लागून गांधींची आत्मीक जीण आनी भायली जीण हातूंत तांकां खूब फरक जाणवतालो. ते उपरांत गांधीन एक सादी जीण जगपाक सुरवात केली. तांणी म्हारग कपडे आनी व्हड घरांत रावपाचें सोडलें. आपूण स्वता रांदपाक लागले. बसीन भोंवपा बदला सगली कडेन ते चलून भोंवपाक लागले. लंडनांत ते शाकाहारी संस्थेचे वांगडी जाले. ह्या स्वावलंबनाक लागून गांधीजी मनांतल्यान खोशी जाले. तशे ते अजुनूय लजकुरेच आशिल्ले.

लंडनांत तीन वर्सां रावून गांधीजीन कायद्याची परिक्षा पास केली. मागीर ते जहाजांतल्यान भारतांत परतले.

भारतांत घरा पावल्या उपरांत गांधीजींक आपली आवय ह्या संवसाराक अंतरल्या म्हूण कळ्ळे. जिणेंत यशस्वी जावपा खातीर गांधीजीन मुंबय वकिली सुरू केली. पूण तांच्या लजकुऱ्या सभावा खातीर कोर्टांत तांच्या तोंडांतल्यान उतरां फुट नासलीं. ताका लागून तांकां अपमानीत जावचे पडटाले.

तेन्नाच गांधीजींच्या भावाक दक्षीण आफ्रिकेंतल्या एका कायदो-कम्पनीची खबर कळ्ळी. हे कम्पनीक एका वकिलाची गरज आसली. 1893 वर्सा गांधी आपले घरकान्नीक घेवन दक्षीण आफ्रिकेक गेले. ह्या अनवळखी देशांत तांकां खूब परकी परकी दिसताले. हांगा पयलेच फावट गांधीन वंशभेदाचो अणभव घेतलो. तांकां आपले काळे कातीक लागून दक्षीण आफ्रिकेंतल्या गोऱ्यां कडल्यान थोमणे आनी मार खावचो पडलो. थंय कायद्याचें काम लेगीत कठीण आसलें. जाय जाल्यार ते भारतांत परत येवपाक शकताले. गांधीन हांगच्या आव्हानाक तोंड दिवपा खातीर स्वताक बदलपाचें थारायलें.






मन लावन आनी एकचित्तान काम करून गांधीन आपलें उद्दिश्ट साध्य केलें. “मनशाच्या सद्गुणांक वळखप आनी ताच्या काळजांत आपले खातीर सुवात तयार करप हें कायद्याचें उद्दिश्ट आसा,” अशें ते मानताले.

गांधीजी दरेकी समस्येक दुसऱ्याची सेवा करपाची संद म्हूण पळोवपाक लागले. मुखार वचून हेंच तांचे यशस्वी जिणेचें गुपीत जालें.



एके राती, कुडकुड्याचे थंडींत गांधीजी, रेलगाडयेंत पयल्या वर्गाच्या डब्यांत प्रवास करताले. इतल्यान एका गोऱ्या मनशान हाचेर हरकत घेतली आनी गांधीजींक ताणें तिसऱ्या डब्यांत वचपाक फर्मायलें.


गांधीजीन वचपाक न्हयकार दिलो, तेन्ना टीसीन ताका डब्यांतल्यान भायर धुकल्लो. ते रातीं थंडेन कुडकुडटना गांधीजींक पयलेच फावट वंशभेदाच्या पक्षपाती दुर्येसाचो दिश्टावो जालो.






रेलगाडयेंतल्या त्या अणभवा उपरांत गांधीजीन मोगाचें बळ वा सत्याग्रहाचो सिद्धांत रचलो. तांणी बरयलें, "मोगाच्या बळार शांतिकायेन हिंसेचेर जैत मेळोवं येता." तांकां हिंसा करिनासतना वंशभेदाच्या पक्षपाती दुयेंसाक मुळासकट हुमटावन उडोवपाचें आसलें. हिंसे आड हिंसा वापरिनासतना, हे धर्तरेर शांतिकायेचो सर्ग हाडपाचो सोपूत गांधीजीन घेतलो.

विसाव्या शेंकड्याचे सुरवेक दक्षीण आफ्रिकेचेर हॉलंडाचें (डच) राज्य आसलें. 12 ऑगस्ट 1906 ह्या दिसा, डच सरकारान मूळ भारतीय आनी काळया लोकांचे नागरी हक्क काडून घेवपी एक काळो कायदो पास केलो. त्या कायद्या विरोधांत, गांधीजीन पयलें अहिंसक आंदोलन सुरू केलें. ह्या आंदोलनांत पांचश्या वयर लोकांनी वांटो घेवन सरकाराच्या ह्या आदेशाचें पालन करप ना असो निर्णय घेतलो.









मूळ भारतियां बरोबर काळया लोकांच्या हक्कां खातीर गांधी आनी तांचे अनुयायी झुजले. बायलांच्या हक्कां खातीरय ते वावुरले. ते लोकांक कायदेशीर सल्ले फुकट दिताले आनी वांगडा निराधारांक आदार करताले. प्लेगाचे महामारीन ज्या लोकांक समाजा भायरे केल्ले तांची सेवा गांधीजीन केली. कोड जाल्ल्या दुर्येतींच्या घाव्यांक मलमपट्टी लावन मरसर तांची सेवा केली. गांधी म्हणटालें, “हे सगले लोक म्हजीं भावंडां, तांचें दुख्ख हें म्हजें दुख्ख, हो पुराय संवसार म्हणल्यार म्हजें कुटुंब.”

गांधीचो धर्मग्रंथ भगवद् गीतेचें शिकवणेचेर खोल विश्वास आसलो. गांधी दिसांतल्यान कितलेशेच फावटीं ध्यान करताले आनी लोकांची सेवा हीच ईश्वराची सेवा मानून ते आपल्या भितरले सुवार्थी हाव कमी करपाचो यत्न करताले. आपल्या निर्णयाचेर वायट परिणाम जावचो न्हय म्हूण रागा पासून ते सदांच पयस रावताले. मोगाचे तांकीचेर विश्वास आनी पुराय संवसार हें आपलें कुटुंब समजुपी गांधीजींचो भंय आनी लज खंयचे कडेन नाज्ञ जालीं.







गांधीजींच्या शिश्यांनी जिणेच्या बऱ्या वायट दोनूय गजालींचो स्विकार केलो. सगल्या आव्हानांक नम्रपणान शांतिकायेन फुडो करीत ते संवसारभर शांती हाडपाचो यत्न करीत रावले.



1915 वर्सा, गांधी आपली घरकान्न आनी चार पुता सयत भारतांत परतले. जाता तितले बेगीन तांणी भारताच्या स्वातंत्र्या खातीरचो संघर्श सुरू केलो. तांकां भारतांतली पक्षपाती जाती वेवस्था ना-नपयत करपाक जाय आसली. हे जाती वेवस्थेंत, ब्राह्मण आनी पंडीत समाजाच्या वयल्या स्तराचेर आशिल्ल्याचे अशें मानताले. उपरांत राजा आनी शिपाय हे क्षत्रीय दुसऱ्या स्तरार, कामगार वर्ग तिसऱ्या स्तरार, आनी सामक्या सकयल्या स्तरार गरीब शुद्र येतात अशें समजताले. गांधीजीन सगल्यांत सकयल्या पांवड्या वयल्या लोकांक “हरिजन” म्हणजे “देवाचीं भुरगीं” ह्या नांवान संबोधीत केले. तांचे मुक्तीचो गांधीजीन निश्चेव केलो.








ब्रिटिशांच्या जुल्मी राजवटींतल्यान भारताक मुक्त करपा खातीरय गांधी वावुरले. सुमार 300 वर्सां मेरेन, हजारभर गोऱ्या ब्रिटिश लोकांनी, 30 कोटी भारतियांचेर राज्य केलें. गांधीजीन लाखांनी – कोट्यांनी लोकां कडेन निसुवार्थीपणान सत्याग्रहाची वाट आपणावपाची मागणी केली. भारतियांनी ब्रिटिशा विरोधांत असहकार चळवळ सुरू केली. तातूंत खुबश्या जाणांक कादयेंत घातले. लाखांनी लोक स्वता चरख्याचेर सूत कातून आपले खादी कपडे तयार करून वापरपाक लागले. म्हणटकच तांकां ब्रिटनांत तयार जाल्ले कपडे विकत घेवपाची गरज पडली ना. खादी, भारतीय स्वातंत्र्य संग्रामांतलें एक सशक्त प्रतीक थारलें.

भारतांतल्या असहकार चळवळीक लागून, ब्रिटिश सरकार सामकें खुबळळें. तातूंतल्यानूच 1919 वर्सा, अमृतसरांतल्या जालियानवाला बाग हत्याकांडांत, ब्रिटिश सैनिकांनी, 379 निश्पाप लोकांची हत्या केली. तशेंच हजारांनी लोकांक जखमी केले.








ताचे उपरांत गांधीजीन देशव्यापी बंद घडोवन हाडलो आनी देशभरांत हो बंद लोकांनी उत्स्फूर्तपणान पाळ्ळो. गांधींच्या अहिंसक सत्याग्रह चळवळीन नेट धरलो. “अहिंसा थंडसाणेन, अविरत आनी सातत्यान काम करीत आसा आनी तातूंतल्यान ल्हवू ल्हवू एक दुयेंत समाज, एका निरोगी समाजांत बदलत आसा,” हीं गांधीजींचीं उतरां प्रेरणा दिवपी थारलीं.




1922 सालांत ब्रिटिश सरकारान “अहिंसा” पसरावप, ब्रिटिश सत्तेक आव्हान दिवप, आनी ब्रिटिशा विरोधांत प्रचार-प्रसार केल्ले खातीर गांधीक अटक केली. गांधीक दोन वर्सां खातीर कादयेंत उडयले. पूण ताचो सत्याग्रह चळवळीचेर व्हडलोसो फरक पडूंक ना. ती चालूच उरली.






आतां भारतांत, ब्रिटिश साम्राज्यवादाक धोको निर्माण जालो. गांधी ताका लागून खूश आसले. कादयेंत आसप ही त्राशीक गजाल न्हय तर अभिमानाची गजाल अशें ते मानूंक लागले. खंयचेंय उच्च उद्दिश्ट साध्य करपाक संघर्शाची वाट लोकां खातीर मार्गदर्शी थारता आनी तातूंतल्यानूच एक दीस भारताचो दरेक नागरीक मुक्त जातलो, अशें गांधी मानताले.

भारता सारक्या गर्मीच्या देशांत, लोकांच्या जेवणांत मीठ सामकें गरजेचें. पूण हेंच मीठ स्वताच्या देशांत तयार करपाक प्रतिबंध हाडपी कायदो ब्रिटिश सरकारान पारीत केलो. मागीर ब्रिटिशा कडल्यान मीठ विकत घेवपा शिवाय भारतियां कडेन आनीक दुसरो पर्याय उरूंक ना.








1930 सालांत गांधीजीन “मीठ यात्रा” सुरू केली. फकत 78 लोकांक घेवन, गांधी साबरमती ते दांडी दर्यादेग, हे 200 मैला वयले पदयात्रेक वचपाक भायर सरले. पूण थंय पावन चिमूटभर मीठ हातांत घेवन, ब्रिटिश सरकाराच्या कायद्याचो सांकेतीक विरोध करचे पयलींच, हजारांनी लोक हे यात्रेंत सामील जाल्ले. भारतांत आपले सत्तेक वेर वचत आसा, हें मिठाच्या सत्याग्रहा उपरांत ब्रिटिश राजवटीक मान्य करचें पडलें.

मिठाच्या सत्याग्रहाचें फुडारपण केल्या उपरांत गांधीजींकूय दिसपाक लागलें, भारतियांचेर आशिल्लो ब्रिटिश साम्राज्यवादाचो विळखो, सैल जायत आसा. लोकां मर्दीं खोशयेचें ल्हार पातळळें. गांधींच्या अनुयायिंनी तांकां “महात्मा” (महान-आत्मा) ही पदवी दिली.

ब्रिटिश सरकार भारता वयलो आपलो शेक तशें सोंपेंपणान सोडपाक तयार नाशिल्लें. पूण दांडी यात्रे उपरांत ब्रिटिशांनी गांधीक कादयेंत घालो. ब्रिटिश सत्तेचेर दबाव घालपाक लागून गांधीजीन बंदखणेंत उपोशण करपाचें थारायलें. ब्रिटिश सरकाराक धमकावपाक ही भोव परिणामकारक आनी अहिंसक पद्दत आशिल्ली. गांधीच्या मरणा खातीर आपूण कारणीभूत जावपाक ब्रिटिश सरकार तयार नाशिल्लें. म्हूण स दिसां भितरच, ब्रिटिशांनी शुद्रांच्या नागरी हक्कांच्या सुरक्षा कबलातीचेर सय करपाक तयार जाले. शांतिकायेन अशे तरेचो समाजीक बदल घडोवन हाडप, हें गांधीचें व्हड जैत आशिल्लें.





1944 सालांत गांधीजींची घरकान्न कस्तुरबा भायर पडली. कस्तुरबा जिवीतभर गांधीजींची फकत खंभीर आदारच न्हय तर तांचे जिणेचो एक अविभाज्य भाग आसली. ती गेल्ल्यान गांधीजींक खूब दुख्ख जालें.






दुसऱ्या म्हाझुजा वेळार, हिंदू आनी मुस्लीम लोकां मदीं धर्म आनी संस्कृतीच्या नांवा खाला झगडीं सुरू जालीं. पुराय देशांत मारबडय जावपाक लागली आनी हिंसक वातावरण निर्माण जालें. त्या समयार, गांधी अनवाणी पांयांनी चलत गांवांगांवांनी भोंवून लोकांक अहिंसा आनी शांतीचो संदेश दिताले.






अखेरेक, 12 ऑगस्ट 1947 वर्सा, ब्रिटिश राजवटींतल्यान भारत स्वतंत्र जालो पूण भारताची विभागणी दोन देशांत जाली. दक्षिणेंत भोवसंख्य हिंदू आशिल्ल्या भारताचे पयले प्रधानमंत्री पं. जवाहरलाल नेहरू जाले, तर उत्तरेंत भोवसंख्य मुस्लीम आशिल्ल्या पाकिस्तानाचे पयले राष्ट्रपती मुहम्मद अली जिन्नाह जाले.

गांधीजीन भारताच्या स्वतंत्रतायेचो खीण मनोवंक ना. हिंदू आनी मुस्लीम लोकांनी सोंशीकपणा दाखोवची, एकामेकांक माफ करचें आनी एकामेकांक समजून घेवचें, हाची याद करून दिवंक गांधीजीन सगल्यांचो विरोध स्विकारून उपोशण सुरू केलें. दुस्वासाचो उजो मोगान पालोवचो असो कळकळीचो उलो गांधीजीन मारलो.









जे तरेन सत्याग्रह चळवळीन ब्रिटिशांक हरयले, तेच मार्गान सत्याग्रह भारतांतल्या विभागिल्ल्या गटांक एका सुतांत बांदतलो हाचेर गांधीजींचो ठाम विश्वास आसलो. पूण दुर्दैवान तें एकीकरण जावपाक पावलें ना.

उपास करता करतां 78 वर्सांचे गांधी मरता मरतां वाचले. ते सामके अशक्त जाल्ले. तरी लेगीत लोकां कडलो आपलो संवाद तांच्यांनी चालू दवरलो.


गांधीजी सगल्या धर्मांक आनी धर्माच्या लोकांक आपले मानताले. ताकाच लागून हिंदू आनी मुस्लिमा मदीं आशिल्ले कट्टरपंथी तांचो दुस्वास करताले.





30 जानेवारी 1948 दिसाचे सांजवेळार, गांधीजी एके प्रार्थना सभेक वताले. थंय हजारांनी लोक तांची वाट पळयताले. नाथूराम गोडसे ह्या एका हिंदू तरणाट्यान तांचेर पिस्तुलान गुळी मारली. गुळी गांधींच्या काळजाक तोपली. गांधीजी कोसळ्ळे. तांच्या तोंडांतल्यान मोगाळ आनी करुणेचीं्च उतरां भायर सरलीं, “राम, राम राम” (हांव तुका माफ करतां, हांव तुजो मोग करतां आनी तुका आशिर्वाद दितां.”)

गांधीजींचेर निमाणें संस्कार दिल्लींत जालें. भारतांतल्या तशेंच संवसारभरांतल्या कोट्यांनी लोकांनी ह्या शांती दुताच्या मरणाचेर दुख्ख परगटायलें.










मरणा वेळार गांधीजीं कडेन कांय मोजकेंच सामान आसलें. दोन कुलेरां, दोन बुडकुले, तीन माकड, तीन पुस्तकां, एक बोल्सान दवरपाचें घडयाळ, एक चश्मो, एक लाताचें गुळाम (जें तांकां जेलींत आसतना मेळिल्लें), एक मेज, चप्पलांचे दोन पार आनी तागेली खादी.



गांधींच्यो अस्थी गुलाबांच्या पाकळयांनी भरसून ताच्या घरच्यांनी गंगा, यमुना आनी सरस्वती ह्या भारतांतल्या तीन पवित्र न्हंयांच्या संगमाचेर विसर्जीत केल्यो.

गांधीजींच्या आवडट्या भगवद् गीतेंत बरयलां, “मोगाच्या ईश्वरा लागीं आत्माचें मिलन जावप, ही सर्वोच्च स्थिती आसता. तेन्नाच व्यक्ती मरणा उपरांत अमर जाता.” मानवतेचो निवळ मोग हेंच गांधींचे जिणेचें मार्गदर्शक तत्व आसलें. जाका लागून कोट्यांनी लोकांची जीण बदलली आनी गांधी सासणाक अमर जाले.

# लेखकाचें टिपण

आपले जिणेंत सातत्यान बदल घडोवन हाडिल्ल्यान, महात्मा गांधी हे धर्तरेचेर रावपी असामान्य व्यक्ती मदले एक आसात. एका ल्हान, लजकुऱ्या, भिवकुऱ्या भुरग्यांतल्यान ते एक म्हान, बरे आनी उदार मनीस जाले. दुसऱ्या वरी रावपाचो यत्न करचे परस स्वता कडेन प्रामाणीक रावप बरें हें तत्व तांणी आपले जिणेंत पाळ्ळें. स्वता कडेन प्रामाणीक रावप सगल्यांत कठीण काम. मनशाची जीण अध्यामीक जागरूकताय, प्रेम आनी शांती हातूंत भरिल्ली आसूंक जाय अशें गांधीजींक दिसताले आनी अशीच जीण ते जगले.
गांधी एक भारतीय देशभक्त आनी म्हान अध्यात्मीक फुडारी आसले. हाका लागून तांकां "राष्ट्र-पिता" म्हूण संबोधीत करतात. अध्यात्मीक तत्वां तांकां तांच्या जैन धर्मांतल्यान मेळ्ळी. जैन धर्मा प्रमाण, मनशाची आत्मा प्रार्थना, शिस्त, प्रामाणीकपण आनी अहिंसेचें पालन करुनूच शुद्ध जाता. जैन धर्माचें प्रतीक "सान्न" जाचो वापर चलतना जमनीर आशिल्ले किडे, मुयो हांकां कुशीक काडून ते पांयांतळा येवचे ना हाची जतनाय घेवपाक जाता.

गांधीचें सगल्यांत आवडटें पुस्तक भगवद् गीता आसलें - धनीपण नासप, समानताय आनी स्वता भितर बदल घडोवप ह्या श्रीकृष्णांच्या शिकवणेचेर आदारीत हिंदूचें पवित्र पुस्तक. लियो टॉलस्टॉय हांचें *द किंगडम ऑफ गॉड इज विदीन यू*, हॅनरी डेविड थोरियू हांचें *ऑन द ड्यूटी ऑफ सिविल डिसओबीडीयन्स* आनी जॉन रस्किन हांचें *अन्टू द लास्ट* हीं गांधींचीं इंग्लीश भाशेंतलीं आवडटी पुस्तकां आसलीं. तीन पुस्तकां जीं गांधीजीन जिवीतभर आपल्या वांगडा दवरलीं तीं म्हणल्यार – भगवद् गीता, कुरान आनी बायबल.
अहिंसक रितीन नागरीक बहिश्कार हे रणनिती खातीर गांधीजी प्रसिद्ध आसात. गांधीजीन आपली आत्मकथा *द स्टोरी ऑफ माय एक्सपेरिमॅण्ट्स विद ट्रुथ* हातूंत बरयलां, "आज्ञा-उल्लंघन, प्रभावी जावपा खातीर खरें आसपाक जाय, ताणें दुसऱ्यांचो आदर करपाक जाय, ताणें विद्रोही आसचें न्हय... ताचे भितर कोणा विशीं दुस्वास वा दुस्मानकी आसूंक फावना." गांधीजी कसल्याय प्रकारच्या झुजा आड आशिल्ले. "जर तुमकां खरेपणी साहसी लोकांक पळोवपाक जाय, जाल्यार त्या लोकांक पळयात जे माफ करतात. जर तुमकां खऱ्या धाडशीक पळोवपाक जाय, जाल्यार तांकां पळयात जे दुस्वास करतल्यांक लेगीत मोग दितात."

संवसारांतल्या वेगवेगळया देशांतले फुडारी गांधींचो खूब आदर आनी सन्मान करताले. गांधीजींच्या खुना उपरांत संवसारांतले एक व्हड विज्ञानीक आल्बर्ट आयन्स्टायन हांणी तांचे विशीं म्हणलें, "भविश्यांत येवपी पिळगी एकवेळ विश्वास दवरची ना की हाडामांसांचो एक असलो मनीस केन्ना हे धर्तरेचेर जल्माक आयिल्ले आनी चलताले-फिरताले."

आमी सगल्या जाणांनी गांधीजींच्या सन्मानान सत्यान, शांतिकायेन आनी मोगाच्या म्हालवजार आपली जीण सारची ही म्हजी आंतरीक इत्सा.

**- डॅमी**



